**Panaji regional news**

**31.05.2025,,, 7.20pm**

## मुखेलमंत्री

गावांनी वा शारांनी रस्त्याचेंर उडक साचुन रावत आसत जाल्यार सरपंच , पंचांनी ह्या परीस्थितीची दखल घेवन उदकाचो विल्हो लावपाचे काम करुन घेवचे, तशेंच गरज पडल्यार भौशिक बांधकाम कात्याच्या मजतीन साचिल्ले उदकाचो विल्हो लांवन घेवचो, उदक साचुन रावल्यार रस्तो पेड्यार जाता, तशेचं उपङात जावपाचीय शक्यता आसता अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमाद सावंत हांणी म्हणला. ते स्वयंपुर्ण गोवा उपक्रमावरवी पावसाच्या फिंटभुयेर आपत्ती वेवस्थापन आनी हैर तयारीवीशी आयोजीत केल्या video conferencing उलयताले.मलेरिया, सारखी दुयेसा पावसान वाडटात, ताका लागुन पंचायतीनी , तशेचं नगरपालिकांनी हे विंशी आवश्यक ती उपाययेवजण करची, गाव , शार नितळ दवरचे अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. हे शिवाय अमृत सरोवर येवजणेवरवी गोंयची सैमिक उदकाची स्त्रातांचे पुर्नजीवन जावचे म्हण पंचायतीनी लक्ष दिवचे, बांयो, झरी, नितळ करचे, व्हाळातले गाळ पावसापयली काडुन घेवचे .

पावसान धबधबे, झरीचेरं काय जाण वताता आनी उपांरात तांच्या जीवार येता. ताका लागुन अशा सुवातींचेंर वचपांक पंचायतीनी , वा नगरपालिकांनी बंदी घालची, थंय बेरीकेडस घालचे, तशेचं प्रवेश बंदी आशिल्ली सुचना दिवपी तक्ते लावचे अशेंय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला.

टी.बी चे दुयेती आशिल्लया नागरीकांक तलाव्या मुलाव्या आरोग्य केंद्रांनी टेली कांऊसिलिंग करचे, तांका आहार, फुकट वखदा दिवप, तशेचं सोरो आनी वीडी वोडपाचे व्यसन सोडुन ६-९ म्हयन्याभितर ताका टी. बी च्या दुयेसापासत मुक्त करपाखातीर वावुरचे अशेय मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

सरकार बरे प्रसासन दिवपाक काम करता, मात गोंयचो hapiness index वाडपाखातीर गोंयकारांनी लेगीत सरकाराक ease of living कशे सुसाहाय्य जांवक शकता ताचेखातीर सुचोवण्यो दिवच्यो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान गोंयकारांक केला.

**डीजीटल म्युझियमाचे**

फार्मागुढी फोण्या छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचो डीजीटल म्युझियमाचे काम 2026 मेरेन पुराय जावन ताचे लोकार्पण जातले . ह्या प्रकल्पाकातीर केंद्र सरकाराच्या capital investment येवजणेवरवी १२५.५९ कोटी तले ९७.४६ कोटी रुपया पयल्या टप्प्यात मंजुर जाल्यात , जाल्यार हालीच जाल्लया मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंय सराकारकडल्यान ह्या प्रकल्पाखातीर २८.१३ कोटी रुपया निधी मंजुर जाल्याची म्हायती पर्यटन खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.हो प्रकल्प २९ हजार २१२ चौखण मीटर सुवातीत येतलो.

ह्या प्रकलपाचे काम दोन टप्यात जातले. जाल्यार हे गोंयचे एक iconic पर्यटन थंळ म्हण गोंय सरकार तयार करतले. छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचे गोंयाकडे आशि्लले नाते , तांचे योगदानाची म्हायती तरणाट्यांक डीजीटल माध्यमातल्यान मेळची म्हण हो डीजीटल म्युझियम महत्वाचो थारतलो अशे मंत्री खंवटे हांणी म्हणला.

सुभाष शिरोडकर

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विकसीत भारत विकसीत शेती येवजण सुरू केल्या. ही येवजण 29 मे दिसा गोंयांत सुरू जाली.शेतकी तंत्रगिन्यानाची खूब उदरगत जाल्या आनी ही येवजण सामान्य शेतकारांक कळोवपाच्या हेतान सुरू केल्या. दुदाचे तंत्रगिन्यान आनी पद्दतींत खूब वाड जाल्या. हाका लागून दुदाच्या

उत्पादनाक फायदो जातलो. अशे उलोवप सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर हानी केले.

जिल्लो खनिज फावंडेशन निधींतल्यान गोवा डेरीक दोन मोबायल पशुवैजकी एम्ब्युलन्स सेवा दिली. हे आॅम्ब्युलन्साचे उक्तावण सहकारी मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी उक्तावण केलें. ह्या संदर्भार गोंय डेरीचे अध्यक्ष पराग नगरसेकर, डॉ.रामा परब, दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्लोधिकारी विशाल कुंडयकार, संदीप परब, उत्तर गोंयचे अतिरिक्त जिल्लोधिकारी पुंडलीक खोरजूवेकर, गोंय डेरीचे वेवस्थापकीय संचालक नवीन कुमार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या आॅम्ब्युलन्सांत शस्त्रक्रिया आनी गरजेचीं उपकरणां पुराय सज्ज आसतात. ताचो खर्च सुमार 20 लाख रुपया जावन आसा.

**राज्यपाल**

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई  2 जून  दिसा आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेचो भाग म्हूण उत्तर गोंयांतल्या श्री भगवती  देवस्थान, पेडणे, हुतात्मा चौक, पार्से-पेडणे, श्री कालिका  देवस्थान, कासरपाल दिवचल, श्री हनुमान देवस्थान, वाळपय, जामिया मशीद, वाळपय, अवर लेडी ऑफ लोर्डिस चर्च, वाळपय आनी गुरूद्वारा, बेती   ह्या धार्मिक थळांक  भेट दितले. राज्यपाल आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेत  धार्मिक थळांक  भेट दिवन गोंय आनी देशातल्या लोकांमदी शांतिकाय, खुशालकाय आनी  कल्याणा खातीर प्रार्थना करतात

**इतिहासकार जयंती**

मडगाव: गोंयांतले नामनेचे तत्वज्ञ आणि इतिहासकार डॉ. फ्रान्सिस लुईस गोम्स हांची १९६ वी जयंती आयज मनयली.ह्या निमतान नावेली आनी मडगांवां अशा दोन सुवातींनी कार्यावळी जाल्यो. नावेली हांगा जाल्ल्या सुवाळ्याक पुरातत्व

खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हे हाजीर आशिल्ले. डॉ. गोम्स हांच्या कर्तृत्वाक लागून गोंयचे नाव संवसाराक फाकले अशा उतरांनी फळदेसाय हांणी तांकां आर्गां ओंपली.

डॉ. गोम्स हांचो जल्म नावेली ह्या गावात जाल्लो. तांचो जल्म जाल्लो ते घर नावेली हांगा आसून ते मोडकळीस आयला. ह्या घराचे गोंय सरकार पुनर्वसन करतले. फुडल्या १५ दिसात पुरातत्व तज्ञांचो एक पंगड ह्या  घराक भेट दिवन ताची तपासणी करतले अशे मंत्री फळदेसाय हांणी ह्यावेळार सांगलें. आदले मुखेलमंत्री लुईझिन फालेरो हेय ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.

डॉ. गोम्स हांका अार्गां दिवपाक मडगावां कार्यावळ जाल्ली. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी गोम्स हांच्या पुतळ्याक हार घालून तांकां आर्गां ओंपलीं.

**घसघसो बंदी**

सत्तरी म्हालातल्या सगळ्या घसघश्यांचेर वचपाक राना खात्यान बंदी घाल्या. सुरवेच्या पावसांत घशघश्यांतल्यान व्हांवपी उदकांतल्यान फातर पडपाची शक्यताय आसा. फूडलो आदेश येय मेरेन ही बंदी लागू उरतली. आदेशाचें उल्लंघन करून घशघशांचेर कोणूय दिसल्यार कडक कारवाय करपाची शिटकावणी रानां खात्यान दिल्या.

करंजोळे, कुमठोळ, चरावणे, हिवरे, सालेली, पाली, सुर्ला, नानेली अशा जायत्या घशघशांचेर व्हडा प्रमाणांत लोक गर्दी करतात. अंदू वेळा पयलींच मान्सून दाखल जाल्ल्यान व्हड प्रमाणांत पावस पडलो. ताका लागून घशघशे व्हांवपाक लागल्यात. सुरक्षेच्या कारणा खातीर राना खात्यान घसघशाचेर वचपाचेर बंदी घाल्या.

**प्रशिक्षण कार्यावळ**

नवी दिल्लींतल्या सांस्कृतीक संसाधन आनी प्रशिक्षण केंद्रान २०२५/२६ वर्सा खातीर सेवेंत आशिल्ल्या शिक्षकां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळ जाहीर केल्या. ह्या प्रशिक्षण कार्यावळींत वांटो घेवपाक सोदपी शिक्षकांनी शाळा प्राचार्यांच्या माध्यमांतल्यान परवरेच्या गोंय शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेक आपलीं नांवां धाडचीं अशें हे संस्थेचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी सांगलें. ५२ वर्सां सकयल्ले नियमीत सेवेंत आशिल्ले  शिक्षक ह्या प्रशिक्षणाक पात्र थारतले अशें ह्या परिपत्रकांत म्हणलां. दरेक सरकारी तशेंच अनुदानित माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांतल्यान फकत एकाच शिक्षकाचे नांव धाडचें अशें गोंय एससीईआरटीन मागलां.